कच्छ आनी सौराष्ट्र प्रदेशा खातीर दोन दिसांच्या वाइब्रेंट गुजरात प्रादेशिक परिशदेचें उक्तावण आयज राजकोटांतल्या मारवाडी विद्यापिठांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलें. सौराष्ट्र आनी कच्छ ह्या अस्तंतेकडल्या बारा जिल्ह्यांनी गुंतवणूक, नवनिर्मानाक चालना दिवपाचो ह्या परिशदेचो हेत आसा. ह्या निमतान प्रधानमंत्र्यानी सौराष्ट्राच्या सात जिल्ह्यांनी 13 नवे ग्रीनफील्ड स्मार्ट उद्देगीक इस्टेटी सुरू केले आनी राजकोटांत खाशेल्या वैजकी उपकरण पार्काचें उक्तावण केलें. ह्या सभाक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , आयज वाइब्रेंट गुजरात शिखर परिशद संवसारीक वाड, आंतरराष्ट्रीय सहकार, आनी भागीदारी खातीर एक घटमूट माची जाल्या अशे सांगलें. सुरवातीच्या पांवड्यार गुजराताच्या क्षमतेक संवसाराक वळख करून दिवप हो तांचो हेत आशिल्लो. लोकांनी गुजरातांत येवन हांगा गुंतवणूक करची आनी भारताक ताचो फायदो जावचो अशी आस ते बाळगीता . तशेंच संवसारभरांतल्या गुंतवणुकदारांक फायदो जावचो अशें तांकां दिसता. वर्सां भितर जागतीक भागीदारांची संख्या सतत वाडत आसा आनी काळा प्रमाण ही शिखर परिशदय समावेशाची एक व्हड देख जाल्या अशे पाणी मुखार म्हणले . byte

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी आयज आदले प्रधानमंत्री लाल बहादुर शास्त्री हांकां ताच्या पुण्यतिथी दिसा फुलांची श्रद्धांजली दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत उपराष्ट्रपती हांणी आदले प्रधानमंत्री शास्त्री हे एक दूरदर्शी फुडारी आशिल्ल्याची म्हायती दिली. तांच्या जिवितांत सादेपण, प्रामाणीकपण आनी राष्ट्रा कडेन अखंड समर्पणाची देख सगळ्यांक मेळ्ळी. उप्राष्ट्पती राधाकृष्णन हांणी ताचो कालबाह्य घोशणा जय जवान, जय किसान सगळ्या पिळग्यांक प्रेरणा दिता आनी देशाच्या सैनिकांक आनी शेतकारांक बेळगे मेळटा अशे सांगलें . तशेंच निस्वार्थ सेवा, नम्रताय, राश्ट्रीय एकचार हे तांचे आदर्श देशाखातीर मार्गदर्शक थारता अशें उपराष्ट्रपती हांणी सांगलें.

गुजरात भोंवडेच्या दुसऱ्या दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी इतिहासीक सोमनाथ स्वाभिमान पर्वचो एक भाग म्हूण आयोजीत केल्ल्या प्रभास पाटनांत भव्य 'शौर्य यात्रा'चें फुडारपण केलें. ह्या यात्रेंत गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल, उपमुख्यमंत्री हर्ष संघवी हानी ह्या यात्रेंत वाटो घेतलो . ह्या मिरवणुकेंत देशभरांतल्यान हजारांनी भक्तांनी वांटो घेतिल्लो. सोमनाथ देवळाची राखण करतना आपलो जीव ओपिल्ल्या

असंख्य झुजाऱ्यांक प्रधानमंत्र्यांनी हांणी श्रद्धांजली ओपली .सोमनाथ स्वाभिमान पर्व उत्सवांत लोकांक मार्गदर्शन करतना तांणी सोमनाथ देवळाची जीर्णोध्दार करपाक विरोध करपी तीं शक्तीं भारतांत हाजीर आनी सक्रीय आसात अशें सांगलें. सोमनाथ स्वाभिमान पर्व हें शाश्वत श्रद्धेचें आनी भक्तीचें जिवंत प्रतिबिंब अशें वर्णन करतना तांणी हो उत्सव फकत इतिहासीक वैभवाची परब न्हय, तर सोमनाथ देवळाचो कालबाह्य प्रवास फुडल्या पिळग्यां खातीर दवरपाची एक म्हत्वाची संद आसा . byte

केंद्रीय युवा वेव्हार मंत्री आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी आयज सकाळीं नवी दिल्लींत जाल्ल्या फिट इंडिया संडेज ऑन सायकलाचे 56वे आवृत्तींत वांटो घेतलो. सध्या विकसित भारत युवा फुडाऱ्यांच्या प्रतिश्ठीत संवादांत वांटो घेवपा खातीर दिल्लींत आशिल्ल्या राष्ट्रभरांतल्या तरणाट्या फुडाऱ्यांनीय हे आवृत्तींत वांटो घेतलो. भारतीय टेनिस स्टार लीअंडर पेस आनी आख्यायिका बॅडमिंटनपटू गोपीचंद हांणी हे सर्तींत वांटो घेतिल्लो

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान, दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, ओडिशा आनी पंजाब ह्या वाठारांनी थंड ल्हारांचा परिस्तिथीचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्या प्रमाण बिहारात आयज थंड दिसांची परिस्तिथी येवपाची शक्यताय आसा.

बायलां प्रिमियर लीग क्रिकेटांत आयज सांजवेळा नवी मुंबयच्या dr डीवाय पाटील स्पोर्ट्स ॲकॅडमींत सर्तीच्या चवथ्या मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्स पंगड गुजरात जायंटस पंगडा आड खेळटले . हि मच सांजवेळा 07:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.